**<u>स्वातंत्र्य दिसानिमतान  मुख्यमंत्र्याचो संदेश</u>**

ता. 14 ऑगस्ट 2017

23 श्रावण 1939

मुख्यमंत्री श्री. मनोहर पर्रीकर हांणी गोंयच्या लोकांक देशाच्या 71 व्या स्वातंत्र्य दिसानिमतान हुनहुनीत परबीं दिल्या.

मुख्यमंत्री आपल्या संदेशात म्हणटा, स्वतंत्र आनी लोकशाय भारत देशाखातीर कश्ट भोगलेल्या आनी आपल्या जीणेचो त्याग केल्ल्या सगळे म्हान फुडारी आनी सुटके झुजाऱ्यांच्या उगडासाक हांव नमन करून आर्गां ओपता.

स्वातंत्र्य दिसाच्या पवित्र प्रसंगार हांव समस्त गोंयच्या लोकांक आपले राज्य आनी देशाच्या विकासाखातीर योगदान दिवपाचो उलो मारता, ज्यामूळे आमी आमच्या देशात शांतीकाय आनी भरभराट हांडपाक शकतले. आमी सगळ्यांनी आमच्या देशाची एकजूट आनी एकात्मतेखातीर समर्पित जावया, अशें मुख्यमंत्री आपल्या संदेशात फुडें म्हणटा.